**मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं 13 नोव्हेंबर दिसा दीनदयाल उपाध्याय ग्रामीण कुशळटाय येवजणेचो शुभारंभ**

ता. 10 नोव्हेंबर 2025

ग्रामीण विकास संचालनालय, भारत सरकाराच्या ग्रामीण विकास मंत्रालयाच्या सहकार्यान 13 नोव्हेंबर 2025 दिसा पणजी हांगा दीनदयाळ उपाध्याय ग्रामीण कुशळटाय येवजण (DDU-GKY) 2.0 सुरू करतले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं सकाळी 10.30 वराचेर ह्या येवजणेचो शुभारंभ जातलो. ह्या कार्यक्रमाक मंत्रिमंडळातले वांगडी, मंत्रालयाचे अधिकारी, मुख्य सचीव, विभाग मुखेली आनी विविध सरकारी विभागांचे अधिकारी उपस्थित रावतले.

ग्रामीण विकास मंत्रालयान अर्थीकदिश्ट्या मागास आनी गरीब कुटुंबांतल्या 15 ते 35 पिराय गटातल्या तरणाट्यांक उच्च दर्जाचे कुशळटाय प्रशिक्षण दिवन नोकरीच्यो संधी उपलब्ध करपा हो ग्रामीण कुशळटाय आनी प्लेसमेंट कार्यक्रमाचो उद्देश आसा. ह्या येवजणे खाला आस्पावीत कुशळटायेचेर भर दितात, जातूंत आरक्षण तशेंच दिव्यांग आनी हेर असुरक्षित वर्गाचो सहभाग सुनिश्चित करपाची तजवीज आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/865

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.